# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# रूथ: एक मोगाची कथा


बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Lyn Doerksen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस



सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.


देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



तुजो आजो- -आवय-बापूय, तांचे आवय-बापूय, आनी तुज्या कुटमांत, तुज्या आदीं आयिल्ले सगळे लोक मेळूंक शकतले जाल्यार, ते कसले लोक आशिल्ले हाचें तुका अजाप जावं येता. पवित्र पुस्तकांत, जेजूचो एक पूर्वज रूत आसली - एक मोआबी बायल जी मूर्तींची पुजा करताली.




रूताची काणी इज्रायलांत सुरू जाता, जेन्नां देवाच्या
लोकांनी देवाचो विस्वास आनी आदन्या पाळप बंद केलें.
भिरांकूळ दुकळ भुंयेर पडलो. दुकळ म्हणल्यार कितें तें
तुमकां खबर आसा? हें बरोबर! जेन्ना फळां वा
पिकां वाडनात, आनी जनावरां आनी केन्ना
केन्नाय मनीस लेगीत उपाशीं मरतात
तेन्ना दुकळ म्हण्टात.
3
एलीमेलेक नांवाचो एक मनीस, आपल्या बायलेक आनी दोन
पुतांक घेवन बेथलेहेम सोडून, जेवण सोदपाक गेलो. तो
मोआब ह्या देशांत गेलो, जंय लोक मूर्तींची पुजा करताले.
4
मोआबांतल्या
एलीमेलेक आनी
ताच्या कुटुंबाक गजाली बऱ्यो जावंक नात. ताका
मरण आयलें, ताचे उपरांत ताचे दोन पूत. ताची बायल
नाओमी,
चिलियन
एलीमेलेक
महलोन
आनी पुतांचीं दोन बायलो, रूत आनी ऑर्फा उरली.
दोनूय चलयो मोआबांतल्यो आशिल्ल्यो.
5
आतां विधवा जाल्ल्या, नाओमीन, आयकलें की सर्वेस्परान
आपल्या लोकांक भेट दिवन, तांकां भाकरी दिली. तिणें
आपल्या मायभूंयेक परत वचपाचें थारायलें. पूण
दोगांय चलयो कितें करतल्यो? नाओमीन तांकां
मोआबांत रावून
परत लगन
जावपाचो
सल्लो दिलो.
6
ऑर्फा परत आपल्या कुटुंबांत गेली. पूण
रूतान न्हयकार दिलो. ताचे बदलाक, रूतान
एक मोगाळ कविता म्हणली, तातूंत तिणें
आपल्या सासमायक केन्नाच सोडचें ना अशें
उतर दिल्लें.
7
नाओमीच्या आदल्या इश्टांक
ती बेथलेहेमाक घरा आयल्या
म्हूण खोशी जाली. पूण तिणें
तांकां नाओमी (सुखद)
म्हणचे बदला “मारा” (कडू)
म्हणपाक सांगलें. “कारण
सर्वशक्तिमानान म्हजे कडेन
खूब कडू वागलां.” नाओमी
कांयच घेवन परतली ना -
रूत सोडून.
8


रूतान मोआबांतल्या चडशा
लोकांभशेन मूर्तींची पुजा केल्ली
आसली, तरी ती तातूंतल्यान वळून
इज्रायलाच्या जिव्या देवाची पुजा
करताली. नाओमीक जेवपाक जाय तें
मेळचें म्हूण रूतान खूब कश्ट घेतले.
दर दिसा ती शेतांत कापणी करप्यां
फाटल्यान वताली आनी उरिल्लें
धान्य उखलताली.
9


बोआज, शेताच्या मालकान,
आयकलें की रूथ आपल्या
सासमायक कितली बरी
आशिल्ली. तिका मेळळी तेन्ना,
बोआजान आपल्या कापणी
करप्यांक मुद्दाम मुठीभर धान्य
सोडून वचपाचो आदेश दिवन
तिका आदार केलो. बोअजाक
रूथ आवडपाक लागले.
10


रूतान नाओमीक
बोअज आनी ताच्या
दयाळपणाची
म्हायती दिली, तेन्ना
नाओमीन देवाची
स्तुती केली. “तो
मनीस आमचो
नातेदार, आमचो
लागींचो नातेदार.”
11


जसो काळ वतालो,
तसो बोअजाक
रूता कडेन लगन
जावन नाओमी आनी तिच्या कुटमाची जमीन
पळोवची इत्सा जाली. पूण दुसऱ्या लागींच्या
नात्यांतल्या मनशाक पयली संद मेळळी. ह्या
मनशाक ती जमीन जाय आशिल्ली - पूण ताका
आपल्या बायले खातीर रूथ नाका आसली.
कायद्यांत म्हणिल्लें, रूता कडेन लगन जाले
बगर ताका ती जमीन मेळूंक शकना.
12


त्या काळांत, लोकांनी गजाली पुष्टी करपाक हात
जोडनाशिल्लो. बोअजान एक चप्पल काडलो आनी
तो भौशीकपणान दुसऱ्या मनशाक दिलो. वेवसाय
निवळ्ळो. रूत ताची बायल जातली.
आतां ती आनी नाओमी बोअजाच्या
घराण्यांतले आशिल्ली.
13


बोआज आनी रूत
हांणी आपल्या पयल्या
पुताक ओबेद हें नांव
दिलें. तो इज्रायलाचो
व्हड राजा दावीद
हाचो आजो जालो.
14

पूण ताचे परस चड अद्भुत म्हणल्यार, बाळक ओबेद हो प्रभू जेजू क्रिस्ताचो पूर्वज आशिल्लो. जेजू दावीदाच्या कुटमाच्या वंशांतल्यान राजांचो राजा आनी संवसाराचो सोडवणदार जावंक आयलो.






रूथ: एक मोगाची कथा

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

रूथ

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130






16 60



हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16